12th March 2026 7.20pm

म्हाजे घर येवजणेवरवी अर्ज करपाची तारीख वाडयता. आनीक एक वर्स काळ ह्या येवजणेखातीर दितले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कान्दावेलु हांणी आयज आयोसीएल, एचपीसीएल आनी बीपीसीएल तेल कंपन्यांचे प्रतिनिधी आनी राज्य सरकाराच्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यांची बसका घेवन राज्यांतल्या एलपीजी सिलिंडर पुरवणेंच्या परिस्थितीचो नियाळ घेतलो. पणजी महापालिका वेंचणुके खातीरची मतमेजणी फाल्या जातली.

गोंय माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शिक्षण मंडळाची धावेची परिक्षा फाल्या 13 मार्च्याक सुरू जाता.

Zero hour – 225

Skin treatment, laser treatment तशेंच हेर तऱ्हेचे उपचार दिवपाची काय जाण गाडे घालुन राज्यात बसला. ह्या वेवसायिकांक वैजकीय फाटंभुय ना, तशेंच Steroid क्रिम आनी तशेंच वखदांचो उपेग केल्यान ताची भलायेकेचेर परीणाम जाता.अशे उपचार घेतिल्लया मनसांक हेपिटायटीस बी, हेपीटयाटीस सी सारखी दुयेसा जाल्याच्यो घडणुको ह्यान पयली घडल्यात. ताका लागुन अशे वेवसाय करपी , तशेचं ब्युटी पार्लरांनी अशा पध्दतीचे उपचार दिवप्यांची पळोवणी करुन तांचेर कडक कारवाय करची अशी मागणी आमदार विरेश बोरकार हांणी शुन्य वराक केला.हे विंशी अन्न आनी वखदा प्रशासनाक पळोवणी करपाक सांगता अशे आस्वासन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिला.

दिवचले खणीचो ब्लॉक -एकात येवपी घरा, देवळा, शेतांच्यो सुवाती वतल्यो, ताका लागुन स्थळावो पर्यावरण संवेदनशील वाठार धोक्यात येतलो अशे आमदार विडय सरदेकाय हांणी म्हणला. २०२२१ च्या प्रादेशिक आराखड्यान ज्या प्रमाण सुवातींचे मार्कींग केला, तेच प्रमाण ती करची. ना जाल्यार लोकांची घरा वचुंक शकता असीय भिरांत सरदेसाय हांणी व्यक्त केला. ह्यावेलरा मुखेलमंत्र दोतोर प्रमोद सावंत हांणी घरा, शेताच्यो सुवाती, तशेंच देवळा वच्ची ना अशे आस्वासन सबाघरात दिला.

राज्यातली आपत्कालीन प्रतिसाद येत्रणा बाबात स्थितीन आसा, कितेय संकश्ट आयल्यार ताका प्रतिसाद दिवपाक ही यंत्रमा सज्ज ना असशे विरोदि पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी सबाघराच्या नदरेक शुन्य वराक हाडुन दिला.

जाल्यार म्हाजे घर येवजणेवरवी अर्ज करपाची तारीख वाडयता. आनीक एक वर्स काळ ह्या येवजणेखातीर दितले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. आमदार केदार नायक हांणी म्हजे घर येवजणेखातीर अर्ज करपाक मुजतवाढ दिवची अशी मागणी शुन्य वराक केल्ली.

Drinking water – 150

राज्यांतल्या वट्ट 6 हजार किलोमीटर पायपलायनी मदली 2 हजार किमी पायपलायन 40 वर्सां पोरनीं आसा. ही 276 किमी पोरनीं पायपलायन बदलपाचें काम हातांत घेतला आनी उरिल्ली पायपलायन तीन वर्सां भितर पावडया पांवड्याचेर बदलपाक हातात घेतले. सद्या 26% जनतेक 24 वरां उदक मेळटा अशे पिवपाचे उदका मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी सांगले.

सभाघरात प्रश्नोतर वरा वेळार विरोधकांनी उदका पुरवणेचो विशय नेटान लावन धरलो. तांचे प्रश्नाक जाप दितना मंत्री फळदेसाय उलयताले.

वर्स 2025-26 वर्सात 378 कोटी इतली अर्थसंकल्पीय तरतुद जाल्ली. पुण तातूंतले 44 टक्के म्हळ्यार 210 कोटी खर्च जाल्यात. वेळा वेळार अर्थसंकल्पीय तरतुदीचो वापर जायना, असो आरोप विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी केलो.

जो मेरेन उदकाची पायाभूत सुविधा तयार जायना ते मेरेन मेगा आनी व्हडले वेवसायीक प्रकल्पाक उदका जोडणी बंद दवरची, अशी मागणी आलेमाव हांणी केली. हे विशीं जाप दितना मंत्री फळदेसाय हांणी सांगले

Rashmi /DIP-LPG - 125

मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू हांणी आयज आयोसीएल, एचपीसीएल आनी बीपीसीएल तेल कंपन्यांचे प्रतिनिधी आनी राज्य सरकाराच्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यांची बसका घेवन राज्यांतल्या एलपीजी सिलिंडर पुरवणेंच्या परिस्थितीचो नियाळ घेतलो. ह्यावेळार

राज्यात घरगुती उपेगाखातीर लागपी डोमेस्टीक गॅस सिलिंडराचो साठो उपलब्ध आसा अशे मुखेल सचिव हांणी ह्या कंपन्यांच्या प्रतिनिधीकडे नियाळ बसका घेतल्या उपरातं म्हणला. हे विंशी लोंकामदी भिरांत पातळची न्ही म्हण उत्तर आनी दक्षीण गोंय जिल्होधिकाऱ्यांक मामलेदारांक आदेश दिंवन प्रत्येक म्हालातल्या गॅस सिलिंडर पुरवण वेवस्थेचेर लक्ष दवरपाक सागंला अशी म्हायती कान्दावेलु हांणी दिल्या. जाल्यार घरगुती उपेगाच्या सिलिंडराचो प्रस्न उप्रासचो न्ही म्हण वेवसायिक सिलिंडराचेर सध्या काय प्रमाणात निर्बंध घाल्यात अशी म्हायती गॅस पुरवण करपी कंपन्याच्या जाळवणदारांनी दिल्या.

तेल कंपन्यांच्या प्रतिनिधींनी उपलब्ध गॅस सिलिंडर सांठो, पुरवण आनी राज्यांत गॅस सिलिंडर पुरवणेंत उणाव जावचो न्हय हे खातीर केल्ल्या उपायांची म्हायती बसकेत दिली.

CCP – 35

पणजी म्हापालिकेच्या 30 प्रभागं खातीर काल शांततायेन मतदान जालें. अंदूं 69.07 टक्के मतदान जालां. म्हापालिकेच्या 30 प्रभागां खातीर 69 उमेदवारां मदीं लडत जाली. फाल्या सकाळीं 8 वरांचेर श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियमाचेर मतमेजणी सुरू जातली.

Sushant – 110

बाळ्ळी-केपे हांगाच्या श्री शांतादुर्गा बाळ्ळीकरीण संस्थानात जावपी शिडियोत्सव आयज सकाळी शेकड्यांनी भाविकांच्या उपस्थितीत मोट्या भक्तीभावात मनयलो. ह्या उत्सवात १५ फूट लांबायेच्या आड्याचेर गड्याक बांदून पांचवेळा घुंवडायतात. हे प्रथेक लागून हो उत्सव आगळो वेगळो थारता आनी तो मनोवक भाविक मोट्या संख्येन हाजीर आसतात.

आयज सकाळी रानांतल्यान हाडिल्ल्या आड्याची विधीवत पूजा केल्या उपरांत हो गडे बांदून घुंवडावपाची प्रथा जाली. गावाचेर देवीचो आशिर्वाद आसचो हे भावनेन दर वर्सा ही प्रथा मनयतात. ह्या देवस्थानाचो शिगम्याचो उत्सव ९ मार्चसावन सुरु जाल्लो. फाल्यां १३ मार्च दिसा ह्या उत्सवाची सकाळी जावपी गुलालान सांगता जातली. दनपरां म्हाआरती, प्रसाद आनी रातचो गळखांब, गाराणे जातले. आयतार १५ मार्च दिसा देवाक ओंपिल्ल्या वस्तूंची पावणी जातली अशें देवस्थान समितीन कळयला.

SSC – 40

गोंय माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शिक्षण मंडळाची धावेची परिक्षा फाल्या 13 मार्च्याक सुरू जाता आनी 9 एप्रिलाक सोपतली. परिक्षा राज्यांतल्या 32 केंद्रांचेर जातली. प्रत्येक दिसा सकाळी 9.30 वरांचेर परिक्षेक सुरवात जातली. 9868 चलें आनी 10791 चलयों मेळून 20659 विद्यार्थी परिक्षेक बसतले.

PIB – 70

गोय राज्यातल्या दक्षिण-पश्चिम रेल्वे मार्गावेल्या रेल्वे संपर्क सुविधेत वाढ करपाखातीर होसपेटे-हुबळी-वास्को मजगतीच्या 321 किमी लांबीच्या मार्गाचे दुहेरीकरणाचे काम सुरू जाला. त्यापैकी या प्रकल्पातले 261 किमी लांबीच्या दुहेरीकरणाचे काम पुराय जाला. या प्रकल्पांतर्गत 72 किमी लांबीचो मार्ग गोय राज्यात आसा. हातूंतलो 30 किमी लांबीचा मार्ग पुराय जाल्ल्याची माहिती केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी काल लोकसभेत अतारांकित प्रश्नाच्या जपेत दिली. या संबंधीचो प्रश्न खासदार कॅप्टन विरियातो फर्नांडिस हाणी विचारिल्लो.

Weather – 25

चडांत चड तापमान 33-34°C जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 24-25°C

Sports – 65

गोवा क्रिकेट असोसिएशनान पर्वरे जीसीए सभाघरांत गोवा प्रीमियर डिव्हिजन लीग खातीर पावणी आयोजीत केल्ली. ह्या सर्तीत पणजी जिमखाना, जिनो स्पोर्ट्स क्लब, साळगांवकार क्रिकेट क्लब, मडगांव क्रिकेट क्लब, चौगुले स्पोर्ट्स क्लब आनी धेंपो क्रिकेट क्लब वांटेकार जातले. 21 मार्च ते 17 एप्रील मेरेन ही सर्त जातली. उंचेल्या पांवड्यार सर्त करपा खातीर आमच्या प्रतिभाशाली खेळगड्यांक ही सर्त म्हत्वाची माची थारतली, अशें GCA अध्यक्ष महेश देसाय हांणी म्हणलें.